२४-११-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**साहित्य संमेलना**

२६ व्यां अखिल भारतीय कोकणी साहित्य संमेलना कडल्यान गोय सरकारचे अभिनंदन

मडगाव : फाटल्या तीन वयर दसकांत राजभाशा कायद्यांत दुरुस्ती खातीर, तशेंच रोमी लिपीचो शांळांत उपचारीक शिक्षणांत आसपाव जावचो म्हूण मागण्यो जातात आनी विधानसभेचे कांय वांगडी ते मागणेक धरून खाजगी थाराव मांडटात. गोंय सरकारान ठाम भुमिका घेवन राजभाशा कायद्यांत बदल जावचो ना ही भुमिका घेतील्ले खातीर  एर्नाकुलम केरळ हांगा जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 26व्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनांत गोय सरकाराक परबी दिवपाचो ठराव पास जालों .दोन दिसांच्या या संमेलनाचो समारोप आज सांजवेळा जालो. केरळ उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश एन. नगरेश हे ह्या वेळार मुखेल सोयरे जाल्यार साहित्यिक जयंत कायकिणी हे खासा आपयिल्ले सोयरे म्हणून हाजिर आसले गोंयांत पेडणे, बार्देज, दिवचल, सत्तरी, फोंडें, सांगें, केपें आनी काणकोण अश्या आठ म्हालांत कोंकणी माध्यमांतली एकय शासकीय मुळावी शाळा अस्तित्वांत ना. पेडणे, सांगें आनी धारबांदोडा ह्या म्हालांत तर कोंकणी माध्यमांतली एकय मुळावी शाळा ना.\गोंय शासनान राश्ट्रीय शिक्षण धोरण आनी राजभाशा कायद्याक धरून शिक्षणीक पांवड्यार कोंकणी माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा दरेका म्हालांत सुरू करच्यो आनी वांगडाच कोंकणी माध्यमांतल्या मुळाव्या शाळांक अर्थीक अनुदान दिवन शिक्षणीक साहित्य आनी सुविधांच्या निर्मिती खातीर पालव दिवचो असोय थाराव पारीत केलो.गोंय, कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी केरळ राज्यांनी रावपी कोंकणी समाजाचें संस्कृतीक, साहित्यीक, भाशीक आदान- प्रदान जावचे नदरेन ह्या चारय राज्यांनी आपलेमदीं एक समजिकायेची कबलात करची आनी ह्या चारय राज्यांनी शिकपी

कोंकणी आवयभास आशिल्ल्या भुरग्यां मदीं एकचार आनी भावचार वाडीक लागचे खातीर धोरण आखचें आनी ते खातीर गोंय शासनान फुडाकार घेवचो अशी मागणे ह्यावेळार केले .वट्ट सात थाराव ह्या वेळार पारित केले.

**110-पुराय गोंयांत 69.84 %अर्ज जाले सादर**

मतदार पडताळणी (एसआयआर) मोहीमेत आयतार मेरेन 8,27,608 अर्ज सादर जाल्या. हे प्रमाण 69.84% आसा, अशी माहिती वेंचणूक कार्यालयाकडल्यान मेळळी. आता फकत 30 टक्के अर्ज सादर जावपाचे बाकी आसा. गोयांत 1185034 मतदारां मेरेन अर्जांचे वाटप जाला.

मतदार पडताळणीचे अर्ज दिवपाची मोहीम 4 नोव्हेंबराक सुरू जाल्ली. मतदारांक म्हायती भरून 4 डिसेंबर मेरेन अर्ज सादर करप आवश्यक आसा. खयच्यान कितले अर्ज आयले ताचो दर दिसा जिल्हाधिकारी नियाळ घेतात, अशी म्हायती उत्तर गोंयचे जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी दिली.बीएलओ कडल्यान अर्ज सादर जावपाचे प्रमाण समाधानकारक आसा.गोंयात 9 नोव्हेंबर मेरेन सगळ्या मतदारामेरेन अर्जांचे वाटप जाले. हाचे उपरांत 10 नोव्हेंबर सावन अर्ज घेवपाक सुरवात जाली. भरिल्लो अर्ज घेवपा खातीर बीएलओक उण्यात उणें तीन खेपो घराक भेट दिवप सक्तीचे आसा.

**अनुपम खेर**

एक मंत्रमुग्ध करपी प्रदर्शनांत नामनेचे अभिनेते अनुपम खेर हांणी गोंयांतल्या पणजीच्या कला मंदिरांत कालच्या पयल्या मास्टरक्लासांत पुरायपणान गुंतून शेंकड्यांनी लोकांची मना जिकली आनी 'गिविंग अप इज नॉट अ चॉयस' ह्या विशयाचेर सत्रांत आपले बुद्धीन प्रेक्षकांची मना मोहित केली. अनुपम खेर हांणी फकत कांय दिसां आदीं सारांशांतली आपली मुखेल भुमिका हारून परत मेळोवपाची कथा सांगून हे सत्राची सुरवात केली. स म्हयने कठिण परिश्रम घेतील्ली भुमिका अचकीत न्हंयकारली ताका लागून ते खूप निराश जाल्ले. मुंबय शाराक सदां खातीर निरोप दिवपाचो संकल्प तांणी केल्लो आनी ते निमाणे खेपे महेश भट्ट ह्या सिनेमाच्या दिग्दर्शकाक मेळपाक गेले. अनुपम

खेराची तीव्र प्रतिक्रिया पळोवन भट्ट हांणी ताचो पुनर्विचार करून परतून तांका फिल्मान घेतले आनी हो चित्रपट फुडें खेर हांच्या कारकिर्दीतलो एक निर्णायक खीण जालो. ह्या अणभवाचेर चिंतन करताना हार मानप ना हो धडो कसो शिकलो हाचेर खेर हांणी उजवाड घालो.

**कोकणी संमेलन परिसंवाद**

90जितलें म्हत्व मूळ संहितेक आसता, तितलेंच म्हत्व अणकाराक आसा. देखून फकत दोन भाशांचेंच गिन्यान आसप पुरो जायना. दोन संस्कृतींचें आनी लोकजीणेचो अभ्यास भोव गरजेचो अशें अध्यक्ष शैलेंद्र मेहता हाणी सांगलें. ते केरळांत २६ वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनांत कवी के. अनंत भट माचयेर 'कोंकणी साहित्याचो हेर भाशेंतलो अणकार' ह्या सत्राचो विशयाचेर उलयताले.  तरेकवार थाराव संमत जावन कोकणी संमेलनाचो काल समारोप जालो.  शणै गोंयबाब, मनोहर सरदेसाय आनी फेलिसीयो कार्दोज हांणी कोंकणी दर्जेदार अणकारीत साहित्य रचलां अशें डॉ. ग्लॅनीश मेंडोन्सा हिणें सांगले.

ह्या सत्रांत डॉ. रमिता गुरव ,गोंय, मिलिंद म्हामल हांणी विचार मांडले.

हवामान

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण पणजे चडानचड तापमान ३३.५ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २४.५ डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला. सद्या राज्यात वातावरण सुके आसा, फुडले कांय दिस राज्यात हलके ते मध्यम प्रमाणात धूके पडपाचो अदमास गोंय वेदशाळेन उक्तायला.

राश्ट्रीय मास्टर्स

हैद्राबाद हांगा जाल्ल्या २१ व्या राश्ट्रीय मास्टर्स जलतरण सर्तीत गोंयच्या श्रिया कारेकार हिका रुप्या आनी काश्या पदक मेळ्ळा. मडगावचे श्रियान १०० मिटर

बॅकस्ट्रोक सर्तीत दुसरो क्रमांक मेळयलो. हरयाणाच्या अपूर्वाक भांगरा पदक जाल्यार महाराश्ट्राच्या साक्षिक काश्या पदक मेळ्ळे. गोंय जलतरण संघटनेचे अध्यक्ष योगिराज कामत हांणी पदक जैतीवंत श्रिया कारेकाराचे अभिनंदन केला.